# राष्ट्रीय साधन-तथा-गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजणे खातीर परीक्षा

ता. 9 फेब्रुवारी 2026

भारत सरकाराच्या शिक्षण मंत्रालयाच्या शालेय शिक्षण आनी साक्षरता खात्या कडल्यान "राष्ट्रीय साधन-तथा-गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजण (NMMSS)" ही केंद्रीय क्षेत्रातली येवजण राबोवपात येता. ही येवजण अर्थिकरित्या दुबळ्या घटकातल्या गुणवान विद्यार्थ्यांक आठवी इयत्तेतले शिक्षण सोडून दिवपा पसून आडावपा खातीर आनी माध्यमिक पांवड्यार शिक्षण सुरू दवरपा खातीर शिश्यवृत्ती दिवपाक राबयतात. ह्या येवजणे खाला णववीच्या प्रत्येक पात्र विद्यार्थ्याक दर वर्सा 12,000/- रुपया शिश्यवृत्ती दितात, जी थारायिल्ल्या अटींच्या पूर्ततेनुसार बारावी मेरेन चालू उरपाक शकता. गोंय राज्या खातीर वट्ट 144 शिश्यवृत्तीं आसात.

शिश्यवृत्ती खातीरची परीक्षा फकत 2025-26 ह्या शिक्षणीक वर्सात आठवी इयत्तेत शिकपी सरकारी, सरकारी अनुदानीत आनी थळाव्या संस्थांच्या शाळांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर आसा. पुण ज्या विद्यार्थ्यांच्या पालकांचे सगळ्या स्रोतांतल्यान वट्ट वर्सुकीं येणावळ 3.5 लाखा परस चड ना आनी जांणी इयत्ता सातवीच्या परीक्षेत कमीत कमी 55 टक्के गुण वा समान ग्रेड मेळयल्या (अनुसूचित जाती/जमाती खातीर 5 टक्के सूट) तेच विद्यार्थी 1 मार्च 2026 दिसा गोंय राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ, आल्तो-पर्वरी हांच्या वतीन आयोजीत राष्ट्रीय साधन-तथा-गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजण परीक्षा 2025-26 क बसपाक पात्र आसात. शाळांच्या प्रमुखांनी 2025-26 च्या एनएमएमएसएस परीक्षे खातीर विद्यार्थ्यांची नामांकनां सादर करपाची निमाणी तारीख 14 फेब्रुवारी 2026 आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/111

--
---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.